# गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी', पयलो माळो, दादा वैद्य मार्ग, पणजी-गोंय 403001

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक 7, वर्स 2017**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 04.08.2017 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

**2. पिराय:** अर्ज भरपाच्या निमाण्या दिसा मेरेन ताची/तिची पिराय 40 वर्सां परस उणी आसूंक जायः मात सरकारी कर्मचारी आनी हेर वर्गांतल्या व्यक्तींची सरकारान सदळ केल्ली चडावंत पिराय मर्यादा सोडून, जी सरकाराचे वतीन वेळोवेळ खासा आदेशा वरवीं अधिसुचीत करून जारी करूं येता, पूण उमेदवाराची पिराय मर्यादा 50 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

## I. कार्मीक खातें

**1. गोंय नागरी सेवेंत कनिश्ठ श्रेणी अधिकारी ...... 10 पदां (5 आरक्षीत ना, 1 अनुसुचीत जमाती आनी 4 हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) (दुसरे फावट)**

**वेतन श्रेणी**: रु. 15,600-39,100+5,400/- (पूर्व-सुदारीत) **पिराय**: 40 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक-** (i) शिक्षणीक पात्रतायः संसदेच्या कायद्यान वा भारतांतल्या खंयच्याय विधीमंडळान स्थापन केल्ल्या विद्यापिठाची वा संसदेच्या कायद्यान स्थापन केल्ल्या हेर शिक्षणीक संस्थांची वा विद्यापीठ अनुदान आयोग कायदो, 1956 (1956 चो केंद्रीय कायदो 3) हाच्या 3 कलमा खाला जाहीर केल्ल्या मानद विद्यापिठाची वा केंद्र सरकारान वेळोवेळ मान्यताय दिल्ल्या विदेशी विद्यापिठाची, ताचे/तिचे कडेन पदवी आसूंक जाय, वा परिक्षेक प्रवेश घेवपा खातीर राज्य/केंद्र सरकाराची मान्यताय प्राप्त पात्रताय आसूंक जाय.
(ii) कोंकणीचें गिन्यान.

**ऐच्छिक** – मराठीचें गिन्यान.

1. हे जायरातीक प्रतिसाद दिवपी सगळया पात्र उमेदवारांक, लघुवळेरी तयार करपाक लागपी चांचणी परिक्षेंत प्रवेश दितले, ही परिक्षा आयोगान थारयल्ले पध्दतीन आयोग घेतले. चांचणी परिक्षेंत पास जावपाक उण्यांत उणे गूण सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसातः

| | |
|---|---|
| आरक्षीत नाशिल्ल्या वर्गांतल्या उमेदवारांक | - 65% |
| हेर मागास वर्गीय वर्गांतल्या उमेदवारांक | - 60% |
| अनुसुचीत जमाती वर्गांतल्या उमेदवारांक | - 55% |